**गोंयच्या दोन शाळांक अर्थियन राष्ट्रीय पुरस्कार**

ता. 1 फेब्रुवारी 2022

गोंयच्या दोन शाळांक “अर्थियन राष्ट्रीय पुरस्कार 2021” फावो जाला. गोंयच्या शाळांनी फाटल्या सात वर्सांसावन व्हिप्रो-अर्थियन कार्यक्रमात सतत जैत मेळयला. 2021 वर्सा खातीर सेंट. जोसेफ शिक्षणीक संस्था, चांदोर साश्ट आनी तुडल हायस्कुल, तुडल गांवडोंगरी, काणकोण हांकां तांच्या अनुक्रमान कोयर वेवस्थापन आनी उदक आनी जतनाय ह्या प्रकल्पां खातीर पुरस्कार फावो जाला.

गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळ, साळगांव आनी सी. पी. आर. पर्यावरणीय शिक्षण केंद्र, चन्नई हांच्या जोड पालवान दर वर्सा कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येता.

जैतवंतांक व्हिप्रो फांऊडेशन, बंगळूरू हांच्या वतीन रोख 50 हजार रूपयां रक्कमेचो पुरस्कार भेटोवपात येतलो. तशेंच राष्ट्रीय पांवड्यार अंतिम वळेरींत पैरा हायस्कुल, पैरा दिवचल आनी रेजिना मुंडी हायस्कुल, चिकली वास्को ह्या दोन शाळांचो आस्पाव जाला. तांकां खास प्रशस्तीपत्र भेटोवपात येतले.

कोवीड म्हामारीक लागून 2021-22 चो वर्सुकीं राष्ट्रीय अर्थियन पुरस्कार भेटवण कार्यक्रम ता. 12 फेब्रुवारी 2022 दिसा सकाळी 9.30 ते 1.30 वरांमजगती जाल्यार प्रादेशीक पुरस्कार भेटवण कार्यक्रम ता. 16 फेब्रुवारी 2022 दिसा सकाळी 10.30 ते 12.30 वरांमजगती व्हर्च्युअल पद्दतीन जातलो.

संबंदीत शाळांक व्हर्च्युअल पद्दतीन कार्यक्रमाक सहभागी जावपा खातीर लिंक धाडतले, अशें गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/88

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji